# गोंय राज्य इनोव्हेशन परिशदेचो जिवन बचाव उपक्रम

पणजी, एप्रिल 16, 2020

चैत्र 27, 1942

गोंय राज्य इनोव्हेशन परिशदेन 3 डी- प्रिंटिंग तंत्रज्ञानाच्या वापर करून अती प्रभावी आनी कमी किमतीचे एफ 4 फेस शिल्ड तयार केल्यात. सेल्फ-फिटिंग फेस शिल्ड डॉ. के. बी. हेडगेवार शाळेन अटल टिंकरिंग लॅबच्या सहकार्यान तयार केल्यात आनी पारंपारीक फेस मास्कच्या तुलनेत अर्थीक आनी वापरपाक सुविधा जनक आसा.

ह्या एफ 4 फेस शिल्डांत एक एर्गोनोमीक डिझायन आसा जो अत्यंत हलको आसा जाका लागून एखाद्यो व्यक्ती कसलीच असुविधा जायनासतना खूब वरां खातीर तो वापरूंक शकता. सफायी कामगार, भलायकी सेवा आदीं आवश्यक सेवेत व्यस्त आशिल्ल्या व्यक्ती खातीर, कमी खर्चात, परत वापरपा सारके मास्क जे घरांत निर्जंतुकीकरण करूंक शकता आनी ते कोरोना विशाणू विरोधांत तांका प्रभावी संरक्षण दिवंक शकता.

परिशदेन हालींच गोंय कोयर वेवस्थापन म्हामंडळाक एफ 4 फेस शिल्डची बॅच प्रदान केली आसा.

डीआय/एनबी/जेए/पीपी/वीजी/2020/1860

--

DIRECTORATE OF INFORMATION AND PUBLICITY.
THIRD FLOOR,UDYOG BHAVAN,
NEAR AZAD MAIDAN, PANAJI GOA